# प्रादेशिक खबरो

26.06.2025 7.25 am

<u>सुशांत/रश्मि 130</u>

गोंयच्या तारवट्यांक पेन्शनाचो लाव भाजप सरकाराच्या कार्यकाळांत मेळ्ळो. ही येवजण मनोहर पर्रीकर मुख्यमंत्री आसतना तयार केल्ली. ही येवजण आतां कायमस्वरुपी करतले, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मडगांवच्या रवींद्र भवनात गोवन सीमन असोसिएशन ऑफ इंडिया हे संस्थेवतीन घडोवन हाडिल्ल्या 'तारवटी दीस' कार्यावळीत तांणी ही घोशणा केली.

ह्या वेळार आदले मुख्यमंत्री चर्चिल आलेमाव आनी हेर म्हालगड्या तारवट्यांचो मुख्यमंत्रचे हस्तुकी भोवमान केलो. ह्यावेळार उलयताना डॉ. सावंत हांणी सांगलें, तारवटी हो गोंयचो म्हत्वाचो घटक आसा. निळी अर्थवेवस्था घटमूट जावची ह्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फुडाकार घेवन वेगवेगळ्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात अशें तांणी सांगलें.तारवटी काम करप्याक कुशळटाय येवची हे खातीर राज्यात दोन संस्थांनी कोर्स उपलब्ध आसात. ताचो फायदो गोंयच्या तरणाट्यांनी घेवचो. हे मेरीटायम संबंदीत कोर्स हे नोकरी उपलब्ध करुन घेवपाक फायद्याचे आसात. तांची म्हायती तारवट्यांच्या संस्थेन तरणाट्यांमेरेन पावोवची अशी मागणी तांणी केली.

<u>रश्मि 50</u>

काल संविधान हत्या दिस पाळलो काग्रेसीन आणीबाणी लांवन लोकतंत्राचो गळो दाबलो,संविधिनाची हत्या केली ,तशेंच लोकशायेची मुल्यां माड्डीली अशे विधान भाजपाचे राश्टीय महासचीव अरूण सिंग हांणी केला. byte

आणीबाणीच्या काळांची झळ गोयाक लेगीत लागली,गोयच्या प्रेसाची वीज जोडणी तोडली, कॉंग्रेसीच्या जुलमी सरकाराआड आवाज उठोवपाक फुडे सरील्ल्या मनशांक कादईत घाले,विद्यार्थ्यांक लेगीत सुटले ना अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

<u>शुकला 30</u>

भारतीय अंतरिक्ष यात्री शुभाशू शुक्लाक आंतरराष्ट्रीय अंतराळात घेवन वचपि ॲक्सियम-4 मोहिमेचे काल अमेरिकेंतल्या फ्लोरिडाच्या केनेडी स्पेस सेंटरांतल्यान येशस्वि प्रक्षेपण जाले. केंद्रीय अंतरिक्ष राज्य मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हाणी शुभंशु शुक्लाक परबीं दिली (bytes २३ sec .)

<u>सुभाष 100</u>

२०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा आठवेंत प्रवेश घेवपी सगळ्या विद्यार्थ्यांनी लागींच्या भौशिक वाचनालयाचे वांगडीपद घेवंचे अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांक कळीत केलां. गोंय भौशीक वाचनालय कायदो, १९९३ च्या कलम ३ खाला वैधानीक तरतुदी प्रमाण दरेका विद्यार्थ्यान आठवेंत पावतकच भौशीक वाचनालयांत सक्तीन नोंदणी करची पडटा. सद्या १२ वी मेरेन शिकपी विद्यार्थी जांणी अजून खंयच्याच भौशीक वाचनालयांत आपली नोंदणी करूंक ना तांणी ती बेगोबेग करची अशें तांणी मांगलां. नोंदणी केल्ल्या विद्यार्थ्यांची संख्या आनी वाचनालय वांगडीपणाची म्हायती दिवपी, अहवाल त्या त्या शिक्षणीक संस्थांनी क्युरेटर, कृष्णदास शामा राज्य केंद्रीय ग्रंथालय, पणजी हांगा ३१ ऑगस्ट मेरेन सादर करचो अशेय शिक्षण संचालनालयान मागलां.

इंटर्न्स 40

प्रसार भारती वेस्ट झोनांत आकाशवाणी आनी दूरदर्शन केंद्रां खातीर टेक्निकल इंटर्न्स पदांखातीर अर्ज मागयता. ६६ जाग्यांखातीर भरती जातली १ वर्साचो कंत्रात आसतलो आणि मानधन ₹२५,००० असतले इलेक्ट्रॉनिक्स, IT, सिव्हिल, टेलिकम्युनिकेशन आदी शाखेंतल्यान ६५% गुणांनी BE/ME केल्ले फ्रेश ग्रॅज्युएट्स avedan.prasarbharati.org ह्या संकेत थळार अर्ज करूंक शकतात

महेश 50

भोपाळाच्या NIHSAD,न एव्हियन इन्फ्लूएंझा निगेटिव्ह आयिल्ल्याची खात्री केल्या उप रांत खबरदारी खातीर कांय काळ बंद दवरीले बोंडला प्राणीसंग्रहालय पर्यटकां खातीर उ क्त जाला. रान मंत्री विश्वजीत राणे हांणी ट्विट करून गोंयच्या रान खात्यान जनावरांची आनी पर्यटकांची भलायकी आनी सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर बेगोबेग आनी जबाबदारपणान काम
केलें, ह्या काळांत गरजेचे सगले जैव सुरक्षा प्रोटोकॉल पाळ्ळे अशें म्हणला

हवामान 40

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसात मध्य महाराष्ट्र कोंकण आनी गोंयात हकलो ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला

हॉकी 20

काल बर्लिनांत चालू आशिल्ल्या 4 नेशन्स चॅम्पियनशिपांत भारतीय कनिश्ट दादल्यां च्या हॉकी पंगडान तिसऱ्या क्रमांकाच्या प्लेऑफांत ऑस्ट्रेलियेक 2-1 अशी हार घाली.